Date :27/11/2025 प्रादेशिक खबरो 7.25 am

प्रादेशिक खबरा

रश्मी 75

भारतीय संविधानाचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक काल संविधान दीस मनयलो. संविधानान दिल्ले हक्क सगल्यामेरेन तशेचं तरणाट्या पिळगेकडेन पावचे, संविधानान दिल्ली जवाबदारी किते, सरकारान किते करचे आनी लोकांनी किते करचे हांची म्हायतीविंशी जागृताय करपाच्य हेतान भारतीय जनता पार्टीन संविधान दिसाची कार्यावळ आयोजित केल्ली. हे वेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत उलयताले. Byte- cm

ह्यावेळार भाजपाचे राश्ट्रीय सरचिटणिस तरुण चुंग हांणी भाजपाचे सरकार सदाच संविधाना प्रमाणा काम करता, प्रशासन हाताळता आनी जनतेक बरे सुशासन दिता अशे सांगले.Byte- tarun chug

जावडेकर 60

ज्येश्ठ साहित्यीक महाबळेश्वर सैल हांकां कुवेंपु राष्ट्रीय पुरस्कार जाहीर जाला. पुरस्कार भेटोवपाचो सुवाळो कुवेंपु हांच्या जल्मदिसाक २९ डिसेंबराक कुप्पली शारांत जातलो. सैल हे लश्करांत आशिल्ले. १९६५ वर्सा तांणी भारत- पाकिस्तान झुजांत वांटो घेतिल्लो. तांका केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा. तशेंच 'हांवठण'हे कादंबरी खातीर 2016 वर्सा तांका प्रतिश्ठेचो सरस्वती सन्मान फावो जाला.

पर्तगाल 90

श्रीसंस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जीवनोत्तम मठाक 550 वर्सा पुराय जाल्या . हे फांटभुयेर 27 नोव्हेंबर - 7 डीसेंबर ह्या काळात वेगवेगल्या धर्मिक,समाजीक आनी सांस्कृतीक कार्यावळीचे आयोजन केला.फाल्या 28 नोव्हंबराक अशिया खंडातलो सगळ्यात व्हड 77 फुटाचो भगवान रामाच्या पुतळ्याचे अनावरण जातले तशेच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी पर्तगाळ मठाच्या पोस्टल स्टेम्पाचे अनावरण,तशेंच केंद्रीय वित्त खात्यावतीन पर्तगाळ मठाचे चित्र आशिल्ल्या खासा नाण्याचे अनावरण जातले अशी म्हायती मठाच्या केंद्रीय समीतीचे अध्यक्ष आनी नामनेचे गोयचे उद्देजक श्रिनिवा स धेंपो हांणी दील्या.

ह्या कार्यावळीक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु, मुखेलमंत्री दोतोर,प्रमोद सावंत, खासदार श्रीपाद नायक,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर रावतले.

इफ्फी 80

56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत वैमानिक - द पायलट ह्या सिनेमाच्या भव्य प्रीमियरांत १९६० त गोंयांत घडिल्ल्या दोन भावांची काळजाक भेद्पी काणी पळयली. दिग्दर्शक नीतीश पॅरिस हानी ह्या सिनेमाचें वर्णन गोंयांतल्यान संवसाराक बरयले एक उक्तें मोगाचें पत्र, जें अजूनय गोंयांकडे संबंधित अशील्ल्यो भावना प्रतिबिंबित करता अशे म्हणला. मजगतीं, तरणाटो चित्रपट निर्मातो सोहम  भेंडे हाणें दिग्दर्शित केल्ल्या झीरो बल्बाक रेड कार्पेट पुरस्कार दिवन भोवमानित केलो. अर्थपूर्ण विशय आनी घटमूट कथाकथन सांगपी गोंयच्या चित्रपटांक सरकारी तेंको आनी व्यापक माची  मेळोवन दितले अशें गोवा मनरीजवण सोसायटीची उपाध्यक्ष दिलायला लोबो हांणी सांगलें.

रश्मी 100

केंद्रीय आनी राज्य युवा वेव्हार मंत्रालयावतीन 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे 1आनी2 डीसेंबर मजगती पणजे कला अकादमीत आयोजन केला अशी म्हायती खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या. Byte :  राश्ट्रीय एकात्मता, सामुदायिक समरसताय, भावपण आनी साहसाची भावना वाडोवपाच्या हेतान ह्या महोत्सवाचे अयोजन करतात.अंदू राज्य युवा महोत्सव 3 घटकांनी जातलो: सांस्कृतीक ट्रॅक, इनोव्हेशन ट्रॅक (सायन्स मेला) आणि  विकसीत भारत चॅलेंज ट्रॅक.हांतुन सांस्कृतीक ट्रॅकांत लोकगीत गट, लोकनाच पंगड, घोशणापत्र, कथा लेखन, कवीता लेखन, चित्रकला, रंगोली आनी फोटोग्राफी आसतली जातूंतल्यान विजेतो राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या युवा महोत्सवांत वांटो घेतलो. जाल्यार राज्य युवा महोत्सवात जैतीवंत जाल्ल्या जैतीवंताक10 ते 12 जानेवारी 2026 मेरेन जावपी राश्टीय युवा महोत्सवात वाटो घेवपाक मेळटलो.

खेळ 25

गोयात अर्पोरा फिडे विश्वचषक बुद्धिबळ सरतीत  उझबेक ग्रांडमास्तर जावोखीर सिंदारोवान चीनच्य जी एम वी हाका हारावन २०२५ वर्षाचे विजेते पद मेळयलें.

रोमानियांत जाल्ल्या आयटीटीएफ संवसारीक युवा सर्तींत भारतीय टेबल टेनिस खेळगड्यांनी दमदार पदार्पण करून दोन पदकांमदी एक रुप्या आनी एक कांस्य पदक मेळयलें.

हवामान40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे तापमान २२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .